## गोंय विद्यापिठांत फाल्या राष्ट्रीय परिसंवादाचे आयोजन

ता. 25 सप्टेंबर 2025

डी. डी. कोसंबी समाजशास्त्र आनी वर्तणुक अभ्यास विद्यालयाच्या समाजशास्त्र विभाग आनी सामाजिक अंर्तभाव अभ्यासाच्या युजीसी केंद्रान आदिवासी कल्याण खाते आनी आदिवासी संशोधन संस्था, गोंय सरकार हांच्या सहकार्यान फाल्या ता. 26 सप्टेंबर 2025 दिसा गोंय विद्यापिठाच्या ब्लॉक बी मदल्या सेमिनार हॉलात "भारतातल्यो आदिवासी संस्थां आनी विकास" ह्या विशयाचेर एका दिसाचो राष्ट्रीय परिसंवाद आयोजीत केला.

गोंय सरकारचे आदिवासी कल्याण मंत्री श्री. रमेश तवडकर हे परिसंवादाक मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले. गोंय विद्यापिठाचे उपकुलगुरू प्रो. हरिलाल बी. मेनन, रजिस्ट्रार सुंदर धुरी, आदिवासी कल्याण सचीव चेष्ठा यादव, संचालक दीपक देसाय, आदिवासी संशोधन संस्थेचे संचालक सागर गावडे, डी. डी. कोसंबी समाजशास्त्र आनी वर्तणुक अभ्यास विद्यालयाच्या समाजशास्त्र विभागाचे प्रमुख प्रो. नागेंद्र राव, डॉ. अरविंद हळदणकर आनी हेर मानेस्त परिसंवादाक उपस्थित रावतले.

प्रो. विर्जिनिएस झा, एन. सुकुमार, सुकांत चौधरी, पद्मश्री विनायक खेडेकर आनी डॉ. पांडुरंग फळदेसाय परिसंवादात वाटो घेतले.

आदिवासी समाजाचो शाश्वत विकास, सामाजिक-सांस्कृतीक परंपरां आनी हेर संबंदीत विशयांचेर परिसंवादात चर्चा जातली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/786

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.